**लम्पी रोगाआड गोरवां सांबाळ आनी चिकित्सा सेवा खात्याकडल्यान उपाय**

ता. 11 जानेवारी 2023

लम्पी ह्या गोरवांक जावपी कातीच्या रोगाचेर नियंत्रण दवरपा खातीर गोरवां सांबाळ आनी चिकित्सा सेवा संचालनालयान साबार उपाय सुरू केल्यात. रोगाची लागण जाल्ल्या जनावरांचेर बेगोबेग उपचार सुरू करपा खातीर खात्यान दोनीय जिल्ह्यांनी जलद प्रतिसाद पंगड तयार केल्यात. शेजारच्या राज्यांतल्यान जनावरां हाडपाचेर पुराय बंदी लागू केली.

निरोगी जनावरांक एलएसडी आड प्रोफेलेक्टिक लसीकरण करपाच्यो दोन फेरी घेतल्यो. दुद उत्पादक शेतकारांक आपल्या जनावरांक दिवपाखातीर जंतनाशक गुळयांचे फुकट वाटप केले. तशेंच खात्यान निरोगी आनी रोगाची लागण जाल्ल्या जनावरांचेर उपचार करपा खातीर आवश्यक आशिल्ल्या वखदांची खरेदी करून ती चिकित्सा सेवा अधिकाऱ्यांक उपलब्ध केल्यात.

भलायकी सेवा संचालनालय आनी ग्रामंचायतीच्या सहकार्यान रोगाचे संक्रमण जाल्ल्या वाठारांनी फॉगिंग आनी निर्जंतुकीकरण करपाचे काम सूरू केला. तशेंच दुद उत्पादक शेतकारांमदी एलएसडी रोगाविशीं जागरूकताय करप आनी जनावरांचे निरीक्षण करतात. एलएसडी रोगाआड उपाय करपा खातीर केंद्र सरकारकडल्यान वखदां आनी हेर मदतीची मागणी केल्या.

गोरवां सांबाळ आनी चिकित्सा सेवा खात्यान गोरवांच्या पावलांक आनी तोंडाक जावपी रोगाआड ब्रुसेलोसिस लसीकरण कार्यक्रमय 20 डिसेंबर 2022 सावन सुरू केला आनी मोहिम 19 जानेवारी 2023 मेरेन चलतली. केंद्र सरकारकडल्यान वखदांची पुरवण जाले उपरांत राज्यात सगळी कडेन जनावरांचे लसीकरण जातले. आतामेरेन एफएमडी लसीकरणाच्यो १८ फेरी जाल्यात. तशेंच ब्रुसेलोसिस लसीकरणाची दुसरी फेरी सुरू आसा.

म्हा /सप ऑपे / विगां/ 2023/51

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji